Akashwani Panaji 4th April 2026 National news 8.40 am

* आसाम, पुडुचेरी, केरळम, तमिळनाडू आनी अस्तंत बंगालांत विधानसभा वेंचणुके खातीर प्रचार सुरू जाला.

* देशांत पेट्रोल, डिझेल आनी एलपीजीची उपलब्धताय सुनिश्चीत करपा खातीर सगले यत्न करतात अशें सरकारान आश्वासन दिलां.

* रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी नवी दिल्लींत रेल्वे अधिकाऱ्यां कडेन नियाळ बसका घेतली.

* भारत आनी आझरबैजान हांणी द्विपक्षीय संबंदांच्या सध्याच्या स्थितीचो पुराय नियाळ घेतलो, तातूंत बाकूंतल्या परस्पर हितसंबंदीत वाठारांचो आस्पाव केला.

Aata puray khabro

82 navy

विशाकापत्नामात स्तेअल्थ फ्रिगेट ins तारागिरी हि युद्धनौका भारतीय नौदलाच्या ताफ्यातआस्पवीत केली.केंद्रीय संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी ह्या सुवाळ्याचे अध्यक्षपद सांबाळ्ळें. नौदळाचा वेपारी जहाजां आनी तेल टँकरांची राखण केल्या अशें तांणी उक्तायले 2047 मेरेन भारतान विकसीत राश्ट्र जावपाच्या ध्येयांत दर्यावेली शक्त मुळाव्या स्थानार आसा अशें संरक्षण मंत्र्यानी ह्या सभेक मार्गदर्शन करतना सांगलें, देशाची दर्यादेग 11 हजार किमी. भारताचो सुमार 95 टक्के वेपार दर्यामार्गांतल्यान जाता, जाल्यार उर्जा सुरक्षाय दर्याचेर आदारून आसा. देखून घटमूट नौदलाची गरज आसा हाचेर भर दिलो. Byte

Pm 130

आसाम, पुडुचेरी, केरळ, तमिळनाडू आनी अस्तंत बंगालांत विधानसभा वेंचणुके खातीर प्रचार सुरू जाला. प्रधानमंत्री आनी भाजपाचे वरिश्ठ फुडारी नरेंद्र मोदी हांणी काल सांजवेळार पुडुचेरींत एनडीए उमेदवारांक तेंको दिवपा खातीर रोडशो केलो. रोडशो उपरांत प्रधानमंत्री  चेन्नय वचपाक  भायर सरले. विधानसभा वेंचणुके खातीर प्रचार करपा खातीर प्रधानमंत्री आयज केरळांत पावतले. भाजपाचे वरिश्ठ फुडारी आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी चालू आशिल्ल्या विधानसभा वेंचणुकेच्या प्रचाराचो एक भाग म्हूण केरळाक भेट दितले. ते  चांगनासेरी पावपाचे  आसात आनी तिरुवल्ला हांगा जावपी एनडीए वेंचणुकेचे बसकेक हाजीर रावपाचो आसा. उपरांत ते  तिरुवनंतपुरमांत पावून , थंय कल्लीकुपम ते करमना मेरेनच्या रोडशोंत वांटो घेतले . मजगती  वरिश्ठ काँग्रेस फुडारी  विरोधी पक्षाचे राहुल गांधी Alappuzha. आनी कुन्नाथुनाड हांगाच्या कार्यावळींनी वांटो घेतले .

Election 77

मुखेल वेंचणूक आयुक्त ज्ञानेश कुमार, वेंचणूक आयुक्त dr सुखबीर सिंग संधू आनी dr विवेक जोशी हांणी अस्तंत बंगालाचे मुखेल सचीव, पुलीस महासंचालक, कोलकाताचे पुलीस आयुक्त, विभागीय आयुक्त, पुलीस अतिरिक्त महासंचालक, आयजी, जिल्लो दंडाधिकारी, सीपी, एसएसपी आनी एसपी हांकां मुक्त, नितीमत्व, पारदर्शक आनी निपक्षपाती विधानसभा वेंचणूक सुनिश्चीत करपाचे निर्देश दिल्यात. मतदारांक भंय आसूंक

फावना, आनी वेंचणूक हिंसाचार, भंय आनी प्रलोभन मुक्त आसूंक जाय अशें तांणी सांगलें. वेंचणुके वेळार बूथ कॅप्चरिंग वा सोर्स जॅमिंग जावचें न्हय अशेंय निर्देशांत म्हणलां.

Leave 67

आसाम, केरळ, पुडुचेरी, तमिळनाडू आनी अस्तंत बंगालांतल्या येवपी विधानसभा वेंचणुके खातीर मतदान दिसा मतदारांक भर पगारी सुटी दिवपाचे निर्देश वेंचणूक आयोगान दिल्यात. सगळ्या पात्र मतदारांक पगार कपात करिनासतना भर पगारी सुटी मेळटली अशें तातूंत म्हणलां. ह्या आदेशाचें उल्लंघन करपी मालकांक दंड भरचो पडटलो. खर पाळो दिवपा खातीर संबंदीत सगल्यांक गरजेच्यो सुचोवण्यो दिवपाचे निर्देश सगल्या राज्य आनी केंद्र शासित प्रदेश सरकारांक दिल्यात.

Petrol 70

देशांत पेट्रोल, डिझेल आनी एलपीजीची उपलब्धताय सुनिश्चीत करपा खातीर सगले यत्न करतात अशें सरकारान आश्वासन दिलां. पेट्रोल आनी डिझेलाची  खरेदी तशेंच एलपीजीची गरजे भायर बुकींग करप टाळपाचो सल्लो नागरिकांक दिला. मजगतीं, द इंडियन ऑयलान एका निवेदनांत , लोकांक एलपीजीची पुरवण अखंडीत दवरल्या आनी सध्या दर दिसा सुमार 28 लाख एलपीजी सिलिंडर पावयता अशी म्हायती दिल्या . एलपीजी रिफिल बुक करपा खातीर गिरायकांक sms  आनी ivrs  अशे डिजिटल मोड वापरपाक प्रोत्साहन दिलां.

110afghan

भारत आनी आझरबैजान हांणी द्विपक्षीय संबंदांच्या सध्याच्या स्थितीचो पुराय नियाळ घेतलो, तातूंत बाकूंतल्या परस्पर हितसंबंदीत वाठारांचो आस्पाव केला. वेपार, तंत्रगिन्यान, पर्यटन, वखदां, संस्कृताय, लोकां मदले संबंद आनी शिमेभायर आतंकवादाच्या आड झुजपाचेर भासाभास

केली. विदेश वेव्हार  मंत्रालयान एका निवेदनांत विदेश वेव्हार  मंत्रालयाची सचीव  सिबी जॉर्ज हिणें आझरबैजानाचे विदेश वेव्हार  उपमंत्री एलनूर मम्मादोवा हांचे वांगडा भारत-आझरबैजान विदेश वेव्हार कार्यालयाच्या सल्ल्याच्या 6 व्या फेरयेचे सह-अध्यक्षपण केलें. तशेंच विदेश वेव्हार मंत्रालयाचे सचीव सिबी जॉर्ज हांणी आझरबैजानाचे विदेश वेव्हार मंत्री जेयहुन बायरमोवा कडेन उलयले. तांणी द्विपक्षीय संबंदांचो नियाळ घेतलो आनी सादारण हिताच्या प्रादेशिक आनी जागतीक गजालींचेर विचारांचे आदान-प्रदान केलें . तशेंच आझरबैजानाचे  राश्ट्रपतीचे विदेश वेव्हार  धोरण सल्लागार हिकमेट हाजीयेव हाणी  जॉर्जाची भेट घेतली

165 vaishnav

रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी नवी दिल्लींत रेल्वे अधिकाऱ्यां कडेन नियाळ बसका घेतली. गरीब आनी मध्यम वर्गाक बरो प्रवास अणभव दिवप हें भारतीय रेल्वेचें मुखेल प्राधान्य उरलां हांचेर ताणी भर  दिलो. तशेंच उत्सवा वेळार खाशेल्यो  गाडयो चलोवपाच्यो  आनी जायत्या सुवातींनी  पंच्यायशी टक्क्यां वयर वेळ पाळपाचे यत्न केल्ल्याचीय तांणी तोखणाय केली. प्रवाशांच्या अणभवाचेर भर दिवन रेल्वे स्टेशनां  बरी देखरेख दवरपाक जाय अशें तांणी सांगलें आनी आधुनिकीकरणा खातीर निधीचो बरो वापर करपाचो उलो तांणी मारला. तशेंच चड प्रवासाच्या काळांत गर्दी वेवस्थापन सुगमतायेचेर तांणी  भर दिलो. हे बसकेंत चालू आशिल्ल्या रेल्वे प्रकल्पां खातीर प्रलंबीत आशिल्ली जमीन संपादन करपाच्या प्रस्नाचेर चर्चा जाली. अडचणी पयस करपा खातीर ही प्रक्रिया बेगीन करपाक आनी गरज पडल्यार राज्य महसूल आनी रान खात्याच्या अणभव आशिल्ल्या निवृत्त अधिकाऱ्यांची तज्ञताय घेवची अशें तांणी  अधिकाऱ्यांक निर्देश दिले. प्रकल्पां खातीर जमनीचे  संपादन बेगीन करपाचो आनी ट्रॅका लागसार रावपी लोकां कडेन बरी पद्दत आपणावपाचेय निर्देश तांणी अधिकाऱ्यांक दिल्या.

184 parliament

जन विश्वास विधेयक, 2026 त हाडिल्ली सुदारणा कायदे सोंपे करपा खातीर आनी दंडाची भिरांत उणी करपा खातीर म्हत्वाचें पावल आसा अशे वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी म्हणाला .जन विश्वास विधेयकांतल्यान पयलेच खेपे 79 कायद्यांतल्यान एक हजार गुन्यांवमुक्त

केल्यात अशें गोयल हांणी सांगलें. विकसीत भारत 2047 च्या देशाच्या प्रवासांत हें विधेयक म्हत्वाचें मार्गदर्शक फातर थारता अशें तांणी सांगलें. नरेंद्र मोदी सरकारान सामान्य मनीस, ल्हान वेवसाय, स्टार्टअप आनी उद्देजकांचेर दाखयल्लो विस्वास हो कायदो दाखयता अशें  ताणी म्हणाला.

Byte गरजे भायर दंड उणे करून नेम सोंपे करून वेवसायांक आनी नागरिकांचे  जिवीत सोंपें करपाचो ह्या नव्या कायद्याचो हेत आसा. विस्वासाचेर आदारिल्ली शासन चौकटी वाडोवपाची आनी वेवसायांचेर भार उणो करून प्रमाणांत नियमन सुनिश्चीत करपाची सरकाराची वचनबद्धताय ह्या विधेयकांतल्यान दिसून येता.भलायकी क्षेत्रांत कितलेशेच म्हत्वाचे कायदे अद्ययावत केल्यात. तातूंत वखदां, अन्न सुरक्षीतताय, फार्मसी, हॉस्पिटलां, भलायकी जतनाय वेवसायीक हांचे संबंदीत नेम आसपवीत आसा.

Imd 73

भारतीय  हवामान खात्यान आयज जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, केरळ आनी माहे हांगा उटानगराचो  पावस पडपाचो अदमास उक्तायला . उत्तर प्रदेश, उदेंत मध्य प्रदेश आनी छत्तीसगडाच्या  जायत्या सुवातींनी वादळा वांगडा गडगड येवपाचो अदमास उक्तायला . अरुणाचल प्रदेश, आसाम ,मेघालय, नागालँड, मणिपूर, मिझोराम त्रिपुरा, कर्नाटक, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल ह्या वाठारांनी वीज पडपा वांगडा गडगड येवपाची शक्यताय आसा अशें हवामान खात्यान उक्तायलां.

Sports 17

भारतीय प्रिमियर लीग क्रिकेटांत पंजाब किंग्सान चेन्नयच्या एमए चिदंबरम स्टेडियमाचेर पांच विकेटींनी चेन्नई सुपर किंग्साचेर जैत मेळयलें.

परतून एक फावट आयचो Mukhel khabro

* आसाम, पुडुचेरी, केरळम, तमिळनाडू आनी अस्तंत बंगालांत विधानसभा वेंचणुके खातीर प्रचार सुरू जाला.

* देशांत पेट्रोल, डिझेल आनी एलपीजीची उपलब्धताय सुनिश्चीत करपा खातीर सगले यत्न करतात अशें सरकारान आश्वासन दिलां.

* रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी नवी दिल्लींत रेल्वे अधिकाऱ्यां कडेन नियाळ बसका घेतली.

* भारत आनी आझरबैजान हांणी द्विपक्षीय संबंदांच्या सध्याच्या स्थितीचो पुराय नियाळ घेतलो, तातूंत बाकूंतल्या परस्पर हितसंबंदीत वाठारांचो आस्पाव केला.

Ani itlyna hyo rashtriy khabro soplyomukhavele rashtriy Khabra patr ttumka aayj sanje 6 vra 30 minitani aykunk meltale namaskar .